भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# फटोवपी जाकोब



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Kerr; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



देवान केन्ना तुज्या कुटुंबाक बाळक धाडला? कितलें रोमांचक! इसहाक आनी रेबेकाक दुप्पट खोस जाल्ली आसूंक जाय. देव तांकां जुळे दिवपाचो आशिल्लो.

रेबेका भितर बाळंटीण झगडली. तिणें मागणें करतना देवान सांगलें की तिचे दोन पूत दोन राश्ट्रांचें फुडारपण करतले – आनी धाकटो महान जातलो. चड करून पयलो भुरगो महान आसता. निमाणें भुरगीं जल्माक आयलीं.



जुळयांचें सारकें नाशिल्लें. एसाव हो व्हडलो भुरगो खूब केंसांचो आशिल्लो आनी तो एक कुशळ शिकारी जावन व्हड जालो. जाकोब गुळगुळीत कात आशिल्लो आनी ताका घरांत काम करपाक आवडटालें. बापूय इसहाक,
एसावाचो सगळ्यांत चड मोग करतालो.
आवय जाकोबाक फावटी दिताली.



एक दीस एसावाक भुक लागली. “म्हाका जेवण दि” ताणें जाकोबाक सांगलें. “तुजो जल्माधिकार म्हाका विक” जाकोबान मागणी केली. एसावाक देवान पयल्या



भुरग्याक दिल्ल्या आशीर्वादाचो कांयच पर्वा नाशिल्लो. ताणें जाकोबा कडेन ही कबलात केली. आतां तांचो बापूय मेलो तेन्ना, जाकोब कुटुंबाचे मुखेलीपण करतलो.

देव एके राती इसहाका कडेन उलयलो. “हांव तुज्या बापायचो देव, अब्राहम. हांव तुज्या वांगडा आसां. तुज्या वंशजांक हांव आशीर्वाद दितलों.” इसहाक देवाक भजतालो तरी ताचो पूत एसाव हित्ती लोकां मदल्या दोन बायलां कडेन लगन जालो, जे लोकांक देवाची काळजी नाशिल्लीं.



इसहाक जाण्टो जालो. “कृपा करून म्हाका ताजें मांस हाड” ताणें एसावाक सांगलें. “तेन्ना हांव तुका आशीर्वाद दितलों.” हो खाशेलो आशीर्वाद बापाय कडल्यान पयल्या भुरग्याक आशिल्लो. एसाव बेगीन शिकारेक भायर सरलो. पूण रेबेकान आयकल्लें. जाकोबाक आशीर्वाद मेळचो अशें तिका दिसतालें.





रेबेकाची एक येवजण आशिल्ली. ती बेगीन इसहाकाक आवडटा तें जेवण शिजयताना, जाकोबान एसावाचे कपडे घाले आनी ताच्या हातांत आनी गळयांत केंसांचीं जनावरांचीं कातडीं घालीं. इसहाकाक बरें दिसनासलें. घडये ताका फटोवंक तांकां मेळटलें?

जाकोबान हें जेवण इसहाकाक हाडलें. “तुका जाकोब सारको आवाज येता” इसहाकान म्हणलें, “पूण तुजे हात एसाव सारके दिसतात.” जेवण खाल्या उपरांत इसहाकान आपल्या मुखार आशिल्ल्या पुताक आशीर्वाद दिलो.





जाकोब गेले उपरांतच, एसाव इसहाका कडेन आयलो. “हांगा तुजें जेवण” ताणें सांगलें. इसहाकाक आपूण फटोवला हें कळ्ळें. “आशीर्वाद बदलूंक मेळना” अशें तो रडलो. एसावाचें काळीज दुस्वासान भरिल्लें. ताणें जाकोबाक मारपाचें थारायलें.

रेबेकान एसावाच्यो धमक्यो आयकल्यो. “तुज्या काकाच्या घरा वच” तिणें जाकोबाक सांगलें, “तुजो भाव तुवें केल्लें विसरना मेरेन.” जाकोबान आपल्या आवयच्या घराण्यांतल्यान बायल सोदची अशें इसहाकान मान्य केलें. देखून जाकोब घरांतल्यान भायर सरलो.



त्या राती जाकोब तकलेक
फातर घेवन न्हिदलो .
घडये तो एकटोच आशिल्लो,
घडये भियेल्लो आसतलो.
पूण तो एकलोच
नाशिल्लो. देव ताचे
कडेन अद्भुत
सपनांत
उलयलो.





“हांव तुज्या बापायचो, अब्राहम आनी इसहाकाचो
देव. हांव तुजे वांगडा आसां. तुका ही जमीन दितलों. तुज्या
कुटुंबान धर्तरिंतल्या सगळया कुटुंबांक आशीर्वाद मेळटलो.”

देव उलयल्या उपरांत जाकोब जागो जालो.
ताका भंय दिसली.

जाकोबाचो मामा लाबानान ताका येवकार दिलो. जाकोब आपल्या मामेभयण राहेलाचेर मोग करतालो आनी ताका तिचे कडेन लगन जावंक मेळचें म्हणून ताणें सात वर्सां लाबानाची सेवा केली.



पूण, लगनाचे रातीं लाबानान जाकोबाक फटयलो.

“ही लीआ, राहेल न्हय” जाकोबान कागाळ केलो. “तुवें म्हाका फटयलो.” व्हडल्या चलयेचें पयलीं लगन जावंक जाय अशें लाबानान सांगलें. “आतां राहेला कडेन लगन जावंक आनीक सात वर्सां म्हजी सेवा कर.” जाकोबान मान्य केलें. घडये ताका इसहाक आनी एसाव हांचे



कडेन केल्ली स्वताची फटवणूक याद जाली.



जाकोबाक इकरा पूत जाले. वर्सां वचत वचत ताका आपल्या कुटुंबाक परतून कनानांत व्हरपाची आकांक्षा जाली. ताचे आवय-बापूय थंय आशिल्ले. पूण ताका मारपाची प्रतिज्ञा केल्लो एसावूय आशिल्लो. सुरक्षीत आशिल्लें काय? एक दीस देवान ताका परत येवपाक सांगलें. जाकोबान आपलें कुटुंब आनी कळप एकठांय करून घरा वचपाक भायर सरलो.



कसली भोंवडी आशिल्ली. एसाव चारशें मनशां सयत जाकोबाक मेळोवंक आयलो! पूण ताणें जाकोबाक दुख दिवंक ना. तो जेकोबाक मेळपाक धांवलो आनी ताका व्हडली मिठी मारली. जाकोब आनी एसाव परतून इश्ट जाले



आनी
जाकोब
सुरक्षीत घरा पावलो.

# फटोवपी जाकोब

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

उत्पत्ती २५-३३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16